GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal

ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

गोंयचीं थळावीं मिथकां: स्वरूप आनी अभ्यास

गोरक शिरसाट

संशोधक विद्यार्थी, कोंकणी अध्ययन शाखा, शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाला, गोंय विद्यापीठ. siratgorak01@gmail.com

डॉ. प्रकाश पर्येंकार

सहयोगी प्राध्यापक, कोंकणी अध्ययन शाखा, शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाला, गोंय विद्यापीठ. prakash@unigoa.ac.in

---

सारांश

आदीम काळा पसून मानवी समाज आपणेंच आपणा पासत निर्मिल्ले लोकसंस्कृतीचे चवकटी भितर जगत आयला. मनशान काळा प्रमाणें ही चवकट आपले सोयी प्रामाण थोडी बदलल्या आसत, पूण केन्ना तिका मुळा पसून हालोवपाचो वा हुमटून उडोवपाचो प्रयत्न केलो ना. ही लोकसंस्कृतीक चवकट ताका ताच्या पुर्जवाचा कडल्यान मेळिल्ली आसा. तें ताचें दायज आशिल्ल्यान इतिहास आनी लोकसंस्कृतीक प्रवासाची ताका फाटभूंय आसा. मानव निर्मीत लोकसंस्कृती ही सैम आनी रुतू बदल, भाशा, खाण-जेवण, धर्म, जाती, उत्सव, आनी एकूण जीवन शैली अशा साबार आंगांतल्यान तयार जाल्ली आसता. ही तात्कालीन लोकसंस्कृती विशिश्ट लोकसमुहाच्या लोकमानसांत खंयच्या बळाचेर उबी जाल्ली आसा? हया प्रस्नाची जाप सोदल्यार, ती समाजांतल्या मिथकांचेर आदारून आसा अशीच आमकां जाप मेळटा. दर एक समाज आपूण निर्माण केल्ल्या मिथकांचे बुनयादीचेर उबो आसता. ताका गोंय आनी सरभोंवतणचो भुगोलीक प्रदेश आडवाद ना.

गोंयचें लोकजीवन आदीम काळा पसून थळाव्या मिथाकांचेर आदारिल्लें आसा. ही मिथकां गोंय आनी कोंकणी मनशाचे कितलेशे लोकबंध आनी आदीबंध हातूंतल्यान घडिल्लीं दिसून येतात. तांचें रूप आनी स्वरूप वेगळें आसा. तांचीं नांवां आनी संबंदीत सण-परबो वेगळ्यो आसात. संबंदीत गोंयकारांची जात, पोट जात आनी कुळां वेगवेगळीं आसात. गोंयच्या थळाव्या मिथकांच्या उगमाच्यो आनी उत्सवा संबंदी निर्मीत दंतकथा आनी काणयो मानवी मुळांचो सोद आसात.

GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal
ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

हया आमच्या प्रपत्रा वरवीं गोंयच्या कांय वेंचीक थळाव्या मिथाकांचो अभ्यास करून तांचें स्वरूप समजून घेवपाचो प्रयत्न हांगा केला.

विशय केंद्रीत उतरां: *मिथक, लोक मानस, आदीबंध, लोकबंध, राखणदार, कूळदेव, ग्रामदेव.*

प्रस्तावना:

गोंयच्या थळाव्या मिथाकांचो अभ्यास करतना त्या थळाची भुगोलीक रचना आनी थंयच्या पर्यावरणाचो विचार करप गरजेचें आसता. गोंयचीं थळावीं मिथकां आनी तांचें स्वरूप साबार घटकांच्या संक्रमणांतल्यान तयार जालां. हे घटक म्हणजे ग्रामीण देव-देवता, त्या गांवांतलें अधिश्टान, स्थानीक लोकांक फालव जाल्ले अधिकार तशेंच त्या देव-देवतांचें रंग-रूप आनी आकार कारण थारतात. गांवांतले अदिम लोक, त्या लोकांमदले सेवेकारी आनी त्या सेवेकाऱ्यांचें देवा कडलें आशिल्लें नातें म्हत्वाचें आसता. देवा संबंदी लोकांच्यो आशिल्ल्यो धारणा प्रबळ आसच्यो पडटात. देव-देवतांच्या आंगार आशिल्लो विशिश्ट भेस तशेंच ताच्या आंगा वयले अलंकार देवतांचीं मूळ वैशिश्ट्यां अधोरेखीत करतात. हया ग्रामीण देवतांक लायतात तो प्रसाद आनी ताचे फाटली कार्यपद्दत आगळी वेगळी आसता.

थळाव्या देवाक वर्सावळी प्रमाणें अर्पण वा देणगी स्वरुपांत भेटोवपाच्यो वस्तूंत खाशेलेंपण आसता. गांव आनी गांवांत आधिकार आशिल्ले गांवकार वर्ग परंपरेन वांटून दिल्ल्या अधिकारा प्रमाणें वर्सावळीचें कार्य पार पाडटात. हीं तांचीं कार्यां गांवांतली वर्सुकी जात्रा, सण, परबो आनी उत्सव मनोवपाक सोयिचें थारता. देवाक केल्ल्यो आंगवणी, गाराणीं आनी सांगणीं लोकाच्या विस्वासात अदीक बळ दिता. हया गांवांतल्या देव देवता संबंदीत प्रचलीत कथा, दंतकथा आनी आख्यायिका आसतात. पौराणीक कथां कडेन आशिल्लो संबंध अधोरेखीत करतना परंपरेंतल्यान मुखार आयिल्लो इतिहास म्हत्वाचो आसून अशा साबार गजालींचो अभ्यास करतकच थळाव्या मिथकांचें स्वरूप कळपाक मदत जाता.

<u>मिथकाची व्याख्या:</u>

1. *"Myth is collective term used for one kind of symbolic communication and specifically indicates one basic form of religious symbolism, as distinguished from symbolic behavior (cult, ritual) and symbolic place of objects. Myths are specific accounts concerning Gods or super human beings and extraordinary events or circumstances in a time that is*

GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal
ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

altogether different of ordinary human experience" (Encyclopaedia Britannica. I. M. C. Mico paedia, Vol.7)

"मिथक हें एका प्रकारच्या प्रतिकात्मक संवादाक वापरिल्लें सामुहीक नांव. आनी तें खास करून धर्मीक प्रतिकांचें एक मुळावें रूप दाखयता, जें प्रतिकात्मक वर्तन (पंथ, विधी) आनी वस्तूंच्या प्रतिकात्मक सुवाते परस वेगळें आसा. मिथकां म्हळ्यार देव वा अतिमानवी जीव आनी विलक्षण घडणुको वा परिस्थितीं विशींचीं खास वर्णनां, जीं सामान्य मानवी अणभवा परस पुराय वेगळ्या काळांत घडटात."

हे व्याख्ये प्रमाणें मिथकां म्हणजे प्रतिकांनी संवाद करपाची भास वा संज्ञा. हीं प्रतिकां मुळांत धर्मांचीं, ताच्या आध्यात्मीक विचारांची, गुरूंचीं, शिकवणेचीं वा विचारधारे वटेन निर्देश करतात. हीं मिथकां अती मानवी वा असादारण घडणुकांचो वृत्तांत आसतात. मुखेल म्हणजे ह्यो घडणुको सामान्य मानवी अणभवा परस एका वेगळ्या अशा काळांत घडलेल्यो आसतात.

ग्रामीण मिथकांचो विचार करतना तीं मिथकां साबार प्रतिकांतल्यान व्यक्त जातना दिसतात. ह्या प्रतिकांच्या माध्यमांतल्यान तांच्या मूळ स्वरुपाचो अभ्यास करप सोपें जाता.

2. *"Today people have scientific answers and theories for many questions about the world around them. But in the earlier times people lacked the knowledge to provide scientific answers. They therefore explained natural events in the terms of stories about God, Goddesses, heroes. Such stories and known as Myths. The stories played an important role in the society's religious life. They believed myth sacred and completely true. By studying myth, we can learn how different societies answered different questions about the World. We study myth to learn how a people developed a particular social system with its many customs and ways of life. By examining myths, we can better understand feelings and values that find members of society into one group".* (World Book of America. Page 764)

GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal
ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

"आयज लोकां कडेन तांचे भोंवतणच्या संवसारा विशीं कितल्याशाच प्रस्नांचीं शास्त्रीय जापो आनी सिद्धांत आसात. पूण पयलींच्या काळांत लोकां कडेन शास्त्रीय जापो दिवपाचें गिन्यान नाशिल्लें. देखून तांणी सैमांतल्यो घडणुको देव, देवी, वीर हांच्या काणयांच्या रुपान स्पश्ट केल्यो. अशो काणयो म्हळ्यारूच मिथकां. ह्या काणयांनी समाजाच्या धार्मीक जिवितांत म्हत्वाची भूमिका घेतलेली आसा. लोक मिथकांक पवित्र आनी पुराय सत्य मानताले. मिथकांचो अभ्यास करून वेगवेगळ्या समाजांनी संवसारा विशींच्या वेगवेगळ्या प्रस्नांच्यो जापो कशो दिल्यो तें आमी शिकूंक शकतां. एका समाजान आपली खाशेली समाजीक वेवस्था, तिच्यो जायत्यो चाली-रिती आनी जिवन पद्धती कशी विकसीत केली तें शिकपा खातीर आमी मिथकांचो अभ्यास जाता. मिथकांचो अभ्यास करून खंयच्याय समाजीक जातीय वर्गाच्या भावनांचो आनी मुल्यांचो अभ्यास करूं शकतात."

ही व्याख्या मिथकांचो एक वेगळो दृश्टीकोन दाखयतात. आदल्या काळार समाजाक विद्यानीक नदर नाशिल्ल्यान लोक सैमाच्यो घडणुको आनी रुतूचक्र हातूंतले बदल देवी देवतांच्यो काणयो सांगून वा तांचे कडेन संबंद जोडून सांगताले. ह्यो काणयो म्हणल्यारूच मिथकां. ह्यो काणयो समाजांत धर्म, म्हणजेच कर्तव्याची भावना रुजोवपाक जबाबदार थारल्यो म्हणपाक जाता. ह्या काणयांक सदांच आपणा भोंवतणी एक पवित्रतायेचें वलय आशिल्ल्याचें दिसता. आनी समाज त्यो सत्य मानता, म्हणून ह्या काणयांक समाजांत म्हत्वाची सुवात आसा. मिथक काणयांचो बारीकसाणेन अभ्यास केल्यार हो संवसार कसो निर्माण जालो हें सांगपाचो प्रयत्न केल्ल्याचें दिसता. मिथकांतल्यान खंयच्याय समाजाचें मूळ, ताचो उगम, तांच्यो चाली रिती, जिवन शैली कशी विकसीत जाली हाचो खोलायेन अभ्यास करपाक जाता.

गोंयच्या थळाव्या मिथकांचो अभ्यास करतना ह्या स्वरुपाची व्याख्या गोंयच्या मिथकां भोवतणच्या काणयांतल्यान मिथक समजुपाक खूब व्यापक आसा.

3. रॉजर फॉवलर मिथकाची व्याख्या खूब व्यापक दृश्टीकोनान दितना दिसतात *"Myths are stories of gods or heroes which may be of a fabulous or superhuman nature, which may have institute a change in the working of the universe*

GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal
ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

on the conditions of social life" (पवार, दत्ता. राजा शिवाजी वाङमयीन मिथ. पृ. 52)

"मिथकां म्हळ्यार देवांच्यो वा वीर पुरुशांचो काणयो, त्यो अद्भूत वा अतिमानवी स्वरुपाच्यो आसूं येतात, आनी त्यो संवसाराचे कार्यपद्धतींत वा समाजीक जिणेच्या परिस्थितींत बदल घडोवन हाडटात."

मिथाकांची ही व्याख्या मिथक म्हणजे देवाच्यो वा वीर पुरुशांच्यो काणयो असो अर्थ दिसा. ह्यो काणयो समाजाक ताचे परसय एक व्हड शक्ती आसा हाची जाणविकाय ह्या अतिमानवी शक्ती आशिल्ल्या पात्रांच्या माध्यमांतल्यान करून दितात.

<u>मिथकां फाटली भावना:</u>

गोंयच्या ग्रामीण जिवनांत लोकदेवतांक खाशेली सुवात आसा. आदिमानवाक खबर आशिल्ल्या आनी जाणीव जावंक नाशिल्ल्या संकल्पनांचो संबंद ह्या देवी देवतांकडेन जोडिल्लो आसता. वेळा काळार ह्या देव देवतांक उलो मारप, तांची दान धर्म करून सेवा करप, वेगवेगळ्या रुतूंत परंपरे प्रमाणें विधी करप हें थारिल्लें आसता. ह्या सगळ्या खातीर मौखीक नियम आसतात. घरांतल्या वा गांवांतल्या कसल्याय रासवळ प्रस्ना खातीर ह्या भूदेवतांक प्रसाद पाकळी लायतात आनी तांचो कौल घेतात. तांचे भायर रिती रिवाजा प्रमाणें बळी दिवपाचीय चाल आसा.

गोंयांत दर एका ग्रामीण भागांत गांवचे शिमे भितर देव-देवतांक खाशेले अधिकार दिल्ले आसतात. हे देव गांवांतल्या सगळ्याचेच आसले तरी काळांतरान कांय देव जाती विशिश्ठ वेवस्थेन वाटून गेल्ले पळोवपाक मेळटात. गोंयांत कदीम काळां पासून बऱ्याच ग्रामीण देवी देवतांचेर पयलीं पसून थळाव्यांचे अधिकार आशिल्ले. पूण उपरांत संक्रमण काळांत दुसऱ्या समाजांतल्या लोकांनी ह्या देवांचेर आपलो धर्मीक, संस्कृतीक आनी सामाजीक हक्क दाखयल्लो पळोवंपाक मेळटा. सुवेवस्थीत बांदावळीच्या देवळांनी हालीं जे तरेन आयोजीत पद्दतीन देवीदेवतांची पुजा आनी आराधना केल्ली दिसता ताचे परस ग्रामीण जिणेंतलें पुजेचें स्वरूप खूब वेगळें आसा.

ग्रामीण देवीदेवतांक घराब्याची भलायकी, गांवची राखण, शेता-भाटांची आनी पिकावळीची राखण ह्यो थळाव्यो देवता करतात अशी श्रद्धा आसा. वेळार पावस पडचो, मोनजातीक राखण मेळची, नड-बड गांवा पसून पयस उरची, दुर्येसांचें निवारण जावचें, सैमीक आपत्ती पासून गांवाक राखण मेळची ही ताचे फाटली भावना आसता.

GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal
ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

ग्रामीण वा थळाव्या मिथकांचें एक खाशेलपण मेळटा तें म्हणल्यार कोणय केन्नाय वाट चुकता, रानांत आडकता, राती वेळार संकटांत पडटा तेन्ना त्या त्या वाठारांतल्या देवाक उलो मारलो काय त्या संकटांतल्यान मुक्ती मेळटा असो लोकविस्वास आसा.

गोंयांतल्या मिथकांचें स्वरूप आनी कार्य:

देंवचार:

गोंयच्या लोकजीवनांत व्यापून आशिल्लो आनी गांव थळांक राखण दिवपी राखणदार म्हळ्यार देंवचार. थळाव्या लोकांक संकटांच्या वेळार पावपी अशी ताची ख्याती आसा. गोंया भायर कोंकणांत देंवचाराचें वास्तव आनी नामनां आसा. मनशाक संकटांतल्यान तारपाचें काम जसो देव करता तसोच देंवचारय करता अशी लोकभावना आसा. थळाव्यांच्या हातांतल्यन कसलीय चूक जाली वा केली तशेंच ताचो फाव तो मान राखलो ना जाल्यारंव देंवचार मनश्याचेर झडप घालता वा ताका लिपोवन दवरता अशी भिरांत लोकमनांत आसा.

देवचाराची उत्पत्ती 'देव' संकल्पनेच्या पयलींची. देंवचाराच्या कार्याचो अभ्यास केलो जाल्यार देव हें देंवचार हे संकल्पनेचेंच सुसंस्कृत रूप अशें मानपाक जाता. कारण दोगांयचें कार्य मनशाक संकटांतल्यान वाटावपाचें आसा. आपलो वर्सावळीचो मान सारको जावंक ना जाल्यार मनशाक फावो ती ख्यास्तय दिवपाचेंय काम तो देवा भशेनच करता. आंगांत 'दैवी' शक्ती आशिल्लो 'चर' वा 'प्राणी' म्हणजे 'देंवचार' असो जाता. पूण फुडें देव ही संकल्पना आकाराक येतना ही शक्ती मनशा पलतडची अशें तिका स्वरूप फावो जाल्ल्यान तातूंतल्यान 'चर' गळून पडून 'देव' हेंच उतर उरलें आसूंक जाय अशें कोंकणी लोकवेद अभ्यासक डॉ जयंती नायक 'गूढबंध' पुस्तकांत बरयतात.

देंवचाराचें अस्तित्व ना असो गोंयांत एकूय वाठार ना. सगळ्या वाठारांनी ताचें स्वरूप एका सारकेंच मेळटा. जरी देंवचार ही एक अदृश्य शक्ती आसली तरी हालींच्या काळांत खूब कडेन गोंयांत ताच्यो मुर्त्यो पुजेक लायिल्ल्यो पळोवपाक मेळटात. देंवचाराक आयताराक आनी बुधवाराक हया दिसा सोरो रोंट, कोंबो मारप वा सोडप, कांबळ दिवप, दांडो, विडी-पान दिवप तशेंच मोठ्या आकाराच्या जोत्याचे जोड दिवपाची चाल साबार गांवांनी आसा.

देंवचाराक प्रत्यक्ष पळयल्ल्याचे दाखले ग्रामीण जिवनांत असंख्य मेळटात. सुमार स ते आठ फूट उंचाय आशिल्लें उंच धिप्पाड शरीर आसता. कपळार धवो टिळो. कानांत गोल अळंकार आनी ओंठार मोठ्यो मिश्यो आसतात. देंवचाराच्या आंगार धवें धोतर वा कासाटो, माथ्यार मुंडासो,

GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal
ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

खांदार कांबळ, हातांत घुंगरां बांदिल्लो दांडो आसता. पांयाक चामड्याचे जोड. केळीच्या सुक्या पानांत चुरो घालून तयार केल्ली विडी ताच्या कानांक खोयल्ली आसता. ह्या विडयेची लांबाय सात ते आठ इंच आसता. ह्या ताच्या भाह्य रुपाच्या वर्णनाक लागून ताचें असामान्य रूप आमच्या आमच्या लक्षांत येता.

देंवचाराचें वास्तव कांय खावपाच्या फळांच्या झाडांचेर सोडून हेर झाडांचेर आसता अशें मानतात. ताचे भायर कांय खाशेले फातर, तळीं, मळे, खळें, शेत, बांद, गांवचे शिमेर, झरे, उदकाचे फांटे, दोंगर आदी सुवाती देंवचाराच्या राबित्याच्यो आसतात अशें मानतात. हजारांनी वर्सां पसून देंवचार हे अतिमानवी शक्तीचो गोंयच्या लोकमानसाचेर खूब मोठो प्रभाव आसा.

दीसपट्टे जिणेंत सदांच देंवचाराचो 'देंवचार' असो उल्लेख जायना. ताका झाडांच्या नांव प्रमाण काजऱ्या वयलो, सातुना वयलो, सांवरी वयलो, चिंचे वयलो, घोटका वयलो ह्या नांवानी वळखतात. जाग्याच्या नांवा वयल्यान तळंगा वयलो, वायंगिणींतलो, तारी वयलो अशी ताची वळख आसा. हुळणाच्या दोंगराचेर ताचें वास्तव आशिल्ल्यान ताका हुळणेश्वर, पाली गांवांत ताचें वास्तव आशिल्ल्यान ताका पालीचो देंवचार अश्या नांवानी ताका वळखतात. उदका लागीं वास्तव आसल्यार तळ्या वयलो, झरी कडलो देंवाचार अशा नांवांनी पाचारतात.

देंवचारांच्या वास्तव्या प्रमाणें तांचें वर्गीकरण करपाक जाता. आदीम काळांतल्या समाजान ताच्या अधिकार क्षेत्राची मर्यादा आखून ताका होरावणी करपाक सोपें पडचें म्हणून ताका वेगवेगळीं नांवां दिल्लीं आसात. दोंगर, उदक आनी सपाट अशा तीन वाठारांनी लोकसंस्कृतींत जमीन वाटून दिल्ली आसा. हाका धरून तीन मुखेल देंवचार थारल्यात. दोंगरार जाचें अस्तित्व आसता तो 'रौदिरो'. उदका कडेन जाचें अस्तित्व आसता तो 'वझर्यो' आनी सपाट जमनीर जो वास्तव करून रावता तो 'देंवचार'. तशेंच कार्या प्रमाणें शेतकामा संबदी आसा तो 'म्हारू'. मसुंडेक संबंदी आसा तो 'हापशी' आनी रानां कडेन संबंदीत आसा तो 'वाघरो'. स्थळा वयल्यान चिंचे देंवचार, नास, गड्या देंवचार अशींय नांवां प्रचलीत आसात अशें डॉ जयंती नायक *गूढबंध* पुस्तकांत सांगतात.

देंवचाराचो खाशेलो उत्सव म्हणजे शिगमो. ह्या उत्सवांत देंवचाराक आवाहन करपाचो हातूंत सगल्यांत म्हत्वाचो भाग आसता. मांडार जावपी साबार विधींचो संबंद देंवचारा कडेन जुडलेलो आसता. गांवच्यो शिमो बांदप ही एक मुखेल भोगावळ शिगम्यांत जाता. ह्या विधींत देंवाचाराक मान दिवन फुडलें एक वर्स गांवची राखण करपाक होरावणी करतात.

GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal
ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

सांतेरी/सातेरी:

गोंयांत स्त्री देवतां मदीं सांतेरी देवीक खूब म्हत्व आसा. गोंयांत आशिल्ल्यो शांतादुर्गा, महालक्ष्मी, लईराई, नवदुर्गा, विजयदुर्गा, आर्यदुर्गा, भगवती, भुमिका केळबाय, बाणेश्वरी ह्या सगळ्या देवींचो उगम आनी तांचें मूळ सांतेरी कडेन जुडलेलें मेळटा अशें लोकवेद अभ्यासक डॉ जयंता नायक सांगतात.

सांतेरी वा सांतेर हें संस्कृतांतल्या 'सांतरा' ह्या उतरांतल्यान घडलां. ताचो अर्थ बारीक बुराक पडलेली वस्त असो जाता. रोयणीक अशे साबार बुराक आसतात ताचे वयल्यान सांतेरी हें उतर घडलां. हाचे वयल्यान सांतरा ह्या उतराचें संस्कृतीकरण जावन तिचें सांतेरी हें उतर घडलां हें दिसून येता. काळा प्रमाणें व्हड जावपी रोयणीचो आकार आदीमानवाक चमत्कारीक आनी पुजनीय दिशिल्ल्यान तिका फुडें विधींतल्यान मिथकीय स्वरूप स्पश्ट जालें.

सांतेरी म्हणजे रोयण, भुमी. गोंयच्या खूबशा गांवांनी सांतेरीक ग्रामदेवी ही उपाधी फावो जाल्ली आसा. सांतेरीचें पुजन रोयणीच्या रुपांत केल्लें मेळटा. जमीन सृजनाचें प्रतीक आशिल्ल्यान तिका स्त्रीदेवीचें उंचेलें स्थान प्राचीन काळांतल्यान दिल्लें आसा. सुरवातेच्या काळांत वा चडशा ग्रामीण वाठारांनी अजून सांतेरीक रोयण रुपांत पुजतात. जाल्यार अर्विल्ल्या काळांत सांतेरीचें मुर्तीकरण जाल्ल्याचेंय दिसून येता. उपरांत तिका घट वा कळस रुपांतय पुजतात. ह्या कळसांत खावचें पान वा णव धान्यां घालतात.

गोंयच्या बऱ्याच देवळांनी सांतेरीच्या देवळांनी कळसांत उदक भरून पिटकोळेचो वा मोगरेचो कळो घालपाची चाल आसा. देखीक मयेंचें केळबायचें देवूळ. कुंकळ्ळे गांवांत शांतादुर्गेच्या देवळांत सांतेरीचें सत्री हें प्रतीक तिच्या उत्सवांत नाचयतात. हो उत्सव खूब फामाद आसा. सांवड्डें धड्यार कापडाच्या बावल्याक धातूचे दोळे आनी नथ लायल्ली आसता. ताका 'सांगेली' अशें म्हणटात. सांतेरी ही मातृ देवता आशिल्ल्यान ती सृजन, पोशण आनी रक्षण अशीं मुखेल कार्यां करता. सांतेरी देवीक तांबड्या, पांचव्या वा हळडुव्या रंगाचो खण-कापड, काजळ कुकूम, हळद, फूल, नाल्ल, तांदूळ विडो भेटयतात.

सांतेरी देवीच्या ग्रामदेवीच्या दर्जा वयल्यान शिरगांव आनी मूळगांवची देख दिवन डॉ. जयंती नायक म्हणटात : "शिरगांवांत लयराई मुखेल देवता, थंय सांतेरीचें ल्हान देवूळ आसा, लयराईचे जात्रेक जेन्ना तिच्यो भयणी तिका भेटवणो धाडटात, तेन्ना त्यो घेवन येवप्यांक आदी सांतेरीच्या थळार येवचें पडटा. थंय तिचो मान-पान करून ते लयराईचे भेटेक वतात. मुळगांवांत केळबायचें

GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal
ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

प्रस्थ व्हड, पूण हांगा वर्सुकी पेटेचे जात्रे दिसा शिवलग्न जाता, म्हणजे पुरुशदेव-स्त्रीदेवतेचो संयोग जाता. तेन्ना रवळनाथाचें लग्न सातेरी कडेनच जाता." (नायक, जयंती. *लोकवेद विमर्श* पान 112-113) ह्या उत्सवा वयल्यान सांतेरी देवीचें हेर देवी देवतां कडलें नातें स्पश्ट जाता.

पुरीस:

कूळ पुरूश वा कूळ पुरीस म्हणजे देवत्व फावो जाल्ले मनीस. पुरूश शब्दाचो अपभ्रंश पुरीस असो कोंकणी भाशेंत घोळटा. खंयचेंय घराणें ज्या मनशा कडल्यान उदेवाक आयलें वा सुरू जालें तो त्या घराण्याचो मूळ पुरीस अशें मानतात. कोशांत ताचो अर्थ नगराधिपती असो दिल्लो आसा. हाचें कार्य-कारण पळयलें आनी स्वरूप पळयलें जाल्यार तो नगराचो अधिपती आशिल्ल्याचें दिसता. ताका भोवसंख्य लोक ग्रामपुरीस वा पांचापुरीस म्हणटात.

ग्रामपुरीस गोंयांत दर एके जाती जमातींत आसता. गोंयांत मूळपुरीस संकलपनेचें मूळ पळयल्यार घराण्यांतलो कर्तुत्ववान पुरूश जो जावन गेला ताकाय हें पद दिलां. श्री विनायक खेडेकार सांगतात ते प्रमाणें सत्तरी, पेडणें ह्या तालुक्यांनी वंस वा वंश ही देवतत्व फावो जाल्ली ग्रामस्थरावयली संकल्पना अस्तित्वांत आसा. हांचें स्वरूप पळयल्यार ते कूळपुरुशाचेंच एक रूप आशिल्ल्याचें दिसता. कूळ पुरूश संकल्पनेचें एक वेगळेपण म्हणल्यार कूळ केन्नाय दुसऱ्या थळार स्थलांतरीत जालें जाल्यार तांचो पुरूश मूळ सुवातेरूच उरता. खंयच्याय कुळाचो पुरीस, ताचो वाठार, ताच्यो विधी आनी चाली-रिती पळयल्यार तें कूळ कितलें आदलें हाचो अभ्यास करूं येता.

ब्रम्हो:

हाचें वास्तव पिंपळाच्या झाडाचेर आसता अशें मानतात. हाची दिसपट्टी पुजा जायना. तशेंच हाका बळी दिवपाची चाल ना. ज्या जाग्यार तो आसा थंय ताका दिवो लायतात. ब्रह्याच्या नांवान एक पान वा वाडी गायेक दितात. ह्या देवाक बायलां संबंदी कसलेंच भश्टेंपण उपकारना इतलो तो सवळो आसता. हो देव उदकाची राखण करता. गोंयांत कांय कडेन ब्रह्याच्यो शिळा लेगीत आसात. ब्रम्ह्याचे सुवातीर कसलोय भश्टकार जाल्यार प्रसाद पाकळी घेवन थंय शांती करतात. गोंयांत खूब सुवांतींचेर ब्रम्ह्यार्ची थळां अस्तित्वांत आसात. ब्रम्हो आनी ब्रम्हदेव हांचे मदीं फरक आसा.

GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal
ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

वेताळ/बेताळ:

गांवची राखण करप हें हे शक्तीचें काम आसता. ताका जोत्यांचे जोड, दांडो आनी वस्त्र अर्पण करपाची चाल आसा. धडें-सांवड्डें, पैंगीण-काणकोण हांगा वेताळाच्यो मुर्त्यो आठ ते धा फूट उंचायेच्यो आसात. पालयें, सोकोड्डें हांगा त्यो चार ते पांच फुटांच्यो लेगीत आसात. गोंयांत लागीं लागीं सगळ्याच वाठारांनी वेतळ/बेताळाचीं थळां मेळटात. बेताळाच्यो मुर्त्यो आदल्या काळार लाकडाच्या स्थंभाच्या रुपांत आशिल्ल्याचे पुरावे मेळटात. तशेंच अर्विल्ल्या काळांत पाशाणाच्यो कोरीव मुर्त्यो केल्ल्यो आसात. बेताळाच्या थळाची वा देवळांतली पुजा चडसो गोमंतक मराठा समाजांतलो गुरव हो पुजारी करता.

विनायक खेडेकार हांच्या मतान "हा मूळ भैरव असून द्वारपाल म्हणून काम करीत होता, तेव्हा देवी पार्वतीच्या शापाने त्याला मानवजन्म घ्यावा लागला तोच बेताळ बनला. शस्त्रधारी सैनिक म्हणून तो ग्रामदेव बनला असावा. बेताळ मूर्तीच्या हाती नेहमी खड्ग असते. बेताळ हा शिवसैनीक आहे. ही फार प्राचीन देवता असून भारतभर त्यांची मंदिरे आहेत. लाकूड वा पाषाणाच्या नग्न मूर्ती आहेत. मत्स्यपुराणात बेताळ सक्त-मांस खाणारा असे म्हटले. गोव्यात रेडा वा बोकडबळी देण्याची प्रथा आहे. (काकोडे, मये, पैंगीण)" (*गोवा देवमंडल उन्नयन आणि स्थलांतर* पान-146-147)

तांच्या मतान बेताळ गोंयच्या कांय उच्च वर्णीय कुटुंबांचो कूळदेव. ब्राम्हण पुजाऱ्यांचो आसपाव जाल्ल्या कारणान आनी हेर घटकांचें मिश्रण जाल्ल्यान ताका शिवरूप दिलां. ताचें नांव श्रीवेताळ महारुद्र अशें जाल्लें दिसता. 'व' आनी 'ब' हातूंत चड व्हडसो फरक ना देखीक बंगालींत ब चो व जाता तशेच प्रक्रियेन बेताळाचो वेताळ जाला.

वाठारो:

हो एका विशिश्ठ वाठाराचो राखणदार आसता. ताचें प्रतीक घुमटी, देवळी वा कांय ठरावीक फातर आसता. ताची नित्य पुजा जायना पूण गोड, साकर आनी फुलां ताचें सुवातेर दवरतात. कांय कडेन ताच्या थळार सप्तकांत एकदां वात लायतात, जाल्यार कांय कडेन कोंबडेचें तातीं दवरतात. कांय सुवातीर सोरो रोंट दितात तर कांय कडेन कोंबो कापतात. गोंयांत खूब कडेन वाठाऱ्याचीं दवस्थानां आसात.

GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal
ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

खुंटी:

गोंयच्या साबार वाठारांनी खुंटीमाया वा खुंटी पुरूस ही देवता मेळटा. पैंगीणी हांगा ती स्त्री देवतेच्या रुपांत आसा. गांवडोंगरे ती परूश देवतेच्या रुपांत आसा. कुडचडें हांगां तिका स्त्री देवतेच्या रुपांत पुजतात. वाठाराची राखणदार अशें तिचें स्वरूप आसून तिका कोंब्याचो बळी दितात. खुंटी देवीची सुवात फातरांचे वंये भितर केल्ली आसता वा एका उगड्या मळार एक फातर वा झाडा मुळांतय आसता. नव्यान येवन जे सुवातेर लोकांनी आदल्या काळार वसती केली आनी खुंटी पुरली ती ही सुवात.

बाराजण :

बाराजण हे सुवातीर मनशाच्या रुपाच्यो मुर्ती आसतात. वा कांयच आसना. पिशाच्च योनिंतले देव हे सुवातेर रावतात अशी धारणा आसा. हे सुवातेर घरांतल्यो मुर्त्यो तेगीत कांय लोक हाडून दवरतात. बाराजाणांतले देव असो हाचो उल्लेख गाराणें घालतना वा सार्वजनीक कामांत जाता. बाराजण ह्या नांवान मुर्त्यो साश्टी, बार्देश आनी तीसवाडी तालुक्यांनी आशिल्ल्यो आनी त्यो पुर्तुगेजांनी मोडल्यो असो उल्लेख पोर्तुगेज दप्तरांनी आशिल्ल्यांचें श्री विनायक खेडेकार सांगतात. बारा गांवचे मुखेली जे सुवातेर बसून गांवच्या विशयांचेर चर्चा करताले अशी ही सुवात. त्याच पुर्वजांच्यो प्रतिमा थंय अशिल्ल्याचें मानतात.

वागरो:

कोंकणांत तशेंच घांट माथ्या वयल्या कांय प्रांतांनी वागाची पुजा जाता. हातूंत वागाची मूर्त वा शिळा पुजतात. कांय कडेन हाका वर्सांतल्यान एकदां बळी दितात. हाका सदची पुजा आसना. आपल्या गोरवांक वासरांक वागा पसून राखण मेळची हे भावनेन वागाची पुजा जाता. गांवांत वागाचो त्रास जावंक लागलो जाल्यारय वागाची पुजा करतात. ताका गाराणें घालून शांत करपाची चाल आसा.

दिवचल तालुक्यांत लामगांव आनी नार्वें गांवांत वागाची फातराची मुर्ती आसा. गोंयच्या लोकसंस्कृतायेंच वागाक खूब म्हत्व आसा. वागरो, वागरयो, वागरोदेव तशेंच वाग्रेश्वर ह्या नांवान थळावे लोक वागाक पुजतात.

GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal
ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

नाग:

गोंयांत नागाक देवता मानतात. कांय कडेन तार्ची देवळां मेळटात. मुखेल देवतेच्या देवळाच्या वाठारांत तार्ची देवळां आसतात. देखीक: पेडणें, दिवचल, धडे-सांवड्डें. नागाक नाग, नागनाथ अशा थळाव्या नांवांनी पाचारतात. नागाच्या देवळांत पाशाणी प्रतिमा आसता. तशेंच कांय कडेन हेर धातूपासून तयार केल्ल्यो म्हुर्त्यो अर्पण करतात. कोणाच्याय हातांतल्यान चुकून नाग मेलो जाल्यार नागाची प्रतिमा नागनाथ देवाक अर्पण करपाची पद्दत आसा. नाग पंचमीक नागाची मातयेची प्रतिमा करून पुजप अशा स्वरुपाचो उत्सव खूबशा जाती जमार्तींनी मनयतात.

सटी:

गोंयांत कितल्याशा गांवांनी कोणय बायल बाळंत जाली काय तिच्या सव्या दिसा सटीची बाधा जावची न्ही म्हणून सटी पुजतात वा करतात वा सटी जागयतात. तिचें खाशेलें अशें स्थान आसा थंय दिवे दवरतात, कुकूम, काजळ दवरतात. तिची पुजा जायना. तिका मेथयां पेज वा खिचडेचो निवेद करतात. भुरग्याची आनी बाळतीची राखण सती करता असोय समज रूढ आसा. सटी जागोवपाक पारंपारीक वाद्यांचो उपेग जाता. ही वाद्यां वाजोवन बाळंतीक आनी भुरग्याक रात भर जागीं दवरतात.

सती:

सतीच्यो कांय सुवाती गोंय भर आसात. थंय वृंदावन, कूंड वा चौथरो आसा. सतीच्यो कांय शिळा सत्तरी, काणकोणच्या वाठारांनी मेळटात. शेळ मेळावली सत्तरी हांगा सतयां कडेन म्हूण एक थळ आसा. झाडानी सत्तरी ह्या पडींग गांवांत सतीचें पाशाण आसा. सत्तरींत तालुक्यांत जावपी फामाद कुरुल्यो उत्सव तार्चेंच प्रतीक आसा. सत्तरी तालुक्यांतल्या केरी गांवात सती उत्सव जाता. ह्या कुरुल्यांचें शिगम्या कडेन घराघरांनी पुजा जाता. सतीक आंगवण करतात. तिका काजळ, कुकूम, फुलां ओंपतात. वळवय गांवांत सतीचो लानसूर हो उत्सव जाता. ह्या उत्सवाक सती आंगांत येवपाचो प्रकार घडटा. ह्या उत्सवाक कोण्या पसून केल्ली म्हारवत मुजरत हाडटात.

खेत्री:

ही दैवी शक्ती शिळेच्या रुपांत आसता. हाका पुजे वेळार गंध, फूल आनी दिवो लायतात. वर्सांतल्यान एकदां वा तीन वर्सांतल्यान एकदां हाका मनशाचें रगत दितात. हाका खेत्र अशेंय म्हणटात. आवत कपलार मारून रगत काडटात. हें रगत शितांत घालतात आनी ताचो निवेद

GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal
ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

देवाक दाखयतात. आमोणें (दिवचले) आनी श्रीस्थळ काणकोणा हांगा अशे खेत्र जातात. कांय कडेन कोंब्याच्या रगताचो मान करून निवेद दितात.

गोंयांतल्या ग्रामीण मिथकांची उत्पत्ती आनी कारणां:

अभ्यासाक घेतलेल्या गोंयच्या ग्रामीण मिथकांचेर चर्चा केल्या उपरांत तांची उत्पत्ती आनी ताचे फाटलीं कारणां समजून घेवप गरजेचें. गोंय आनी एकूण कोंकण प्रांतांतली मिथकांची वेवस्थ्या आनी तांच्यो विधी पळयत जाल्यार मनशाचो सैमांतल्या घटकां कडलो संबंद तातूंत दिसता. दोळयांक जरी दिसलें ना तरी सामाजीक चेतनेच्या स्थरार समाजांत हीं मिथकां आदीम काळांतल्यान रंगरूपाक आनी आकाराक आयल्यांत. हीं मिथकां मनीस आनी सैमाच्या निरंतर संवादांतल्यान जल्माक आयल्यांत हें सिद्ध जाता. देखीक सैमीक संकटां पसून आपल्या गांवाक, आपल्या पोटा पाण्याच्या साधनाक सांबाळपाक, बरें कार्य करचे पयलीं रक्षण मागपाक घाडी, गुरव, जल्मी, आनी भट हांणी घातिल्लें गाराणें वा केल्लें सांगणें हेंवूय हया प्राचीन संवादाचेंच एक रूप आसा. सैमांतले चमत्कार, अनाकलनीय मनीस तत्वां, आनी तांकां प्रतिकात्मतेन दिल्लें रूप हांच्या सुमेळांतल्यान निसर्ग शक्तीचीं रुपकां रचून कल्पनारम्य मिथकां निर्माण जाल्यांत. सैमांतले शक्तींक आदीम मानवी समुहान निराकार आनी आकार स्वरुपांत देवी देवता मानले. मनीस जिणेंतलीं सूख दुख्खां, जल्म-मरण, साबार कश्ट आनी संकटां हांचो संबंद नियतिच्या चक्रा कडेन जोडलो आनी सैमांतल्यो शक्ती नमशाचे इत्सेन नियंत्रीत करपाक मेळटात अशी धारणा निर्माण जाली. यातू विद्द्र्येंतल्यान साबार विधी आनी कर्मकांडांचो जल्म जालो. विधी आनी कर्मकांडांचो एक भाग म्हणून मिथकां आनी मिथक कथा निर्माण जाल्यो. वयर चर्चा केल्ल्या सगळ्या मिथकांचो आनी तांकां संबंदीत विधींच्या अभ्यासांतल्यान मनशाचो शरणागत जाल्ल्याचो पुरातन अवशेश म्हणूनय हया मिथकां कडेन पळोपपाक जाता.

अशीं वेगवेगळ्या रुपांचीं मिथकां निर्मण जावपाचें आनीक एक म्हत्वाचें कारण हांगा दिसून येता तें म्हणल्यार जें जावन गेलां ताचो भंय. जें जावं येता ताचो भंय. जें आतां जाता ताचोय भंय लोकमानसांत आसता. जें आपल्या आकलना भायर वा कल्पनाशक्तीच्या भायर आसा ताचो भंय मनश्यान सदांच मनांत धरला. आनी जें आपणाक खबरच ना ताचोय भंय मनश्याक भेश्टायत आयला.

वयर उल्लेख केल्ल्या भंयांच्या निवारणा खातीर मिथकां निर्माण जाल्ल्याचेंय कारण संवसारीक पांवड्यार अग्रस्थानार आसा. मिथकांचे हे सार्वत्रीकते बाबतींत अभ्यासक प्रभाकर मांडे म्हणटात

GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal
ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

"ज्या मानसीक अवस्थेचा एकेकाळी सगळ्या मानवांनी अनुभव घेतला, त्या अवस्थेला दैवतकथांतून संवेदीत होणारी मानसीक अवस्था असे म्हणचा येईल. ह्या मानसीक अवस्थेला ऍड्रूय लँग यांनी 'Mythopoeic condition' असे म्हटले आहे. या मानसीक अवस्थेचा सर्वांना अनुभव आला. त्यामुळे सगळ्या भागात सारख्याच दैवतकथा निर्माण झाल्या" (मांडे, प्रभाकर. *लोकसाहित्याचे स्वरूप.* पान 107)

हाचे वयल्यान एकूण मिथकां एके विशिश्ठ काळांतल्या मनशांनी अणभव घेतलेले समान मानसीक अवस्थैंत निर्माण जाल्यांत. होच सिद्धांत गोंयच्या थळाव्या मिथकांक लावन पळयतात तेन्ना गोंयच्या मिथकांचो माग घेयत कोंकणी मनशाचे हेच समान मानसीक अवस्थेचो सोद लागता.

मिथकांनी सृश्टीच्या भंया बदलाक श्रद्धेचो अभय निर्माण केलो. ताका लागून भंयाचें निर्मूलन हेंवूय मिथकांचे निर्मिती फाटलें एक म्हत्वाचें कारण थारता.

निश्कर्श:

1. गोंयच्या थळाव्या मिथकांचें मुखेलपणान सैमीक मिथकां, धर्मीक मिथकां, मौखीक परंपरेंतलीं मिथकां, कथात्मक रुपांतलीं, अलौकीक मिथकां अशा प्रकारांनी वर्गीकरण करूं येता.
2. दर एका थळाव्या मिथका संबंदी (देवी/देवता) थारायल्ल्यो दीसपट्यो, सात दिसांच्यो वा वार्शीक विधी थारिल्ल्यो आसात. ह्या विधींनी तांकां वेगवेगळ्यो संबंदीत वस्तू, जनावर, पक्षी वा जिनस अर्पण करपाची चाल आसा.
3. ग्रामीण जिणेंत लोक स्वताक आनी आपल्या गांवाक संबंदी पारंपारीक वेवसाय, वर्सुकी उत्सवाक कुटूंबाची भलायकी, सैमीक संकट, कसलेंय बरें कार्य सुरू करचे पयलीं थळाव्या देवांक कौल प्रसाद लावन, आंगवण करून, सांगणें करून वा गाराणें घालून उतर घेवपाची चाल सगळ्याक मेळटा.
4. गोंयचीं थळावीं मिथकां हीं सैमीक घडणुको, प्राकृतीक आनी समाजीक संकटां, रुतू बदल हांचे पसून समाजाची राखण करपाच्या हेतान घडल्यांत. पारंपरीक पिकावळ, शेती-बागायती हांची राखण जावची ह्या हेतानय हीं मिथकां निर्माण जाल्यांत. उदक, दोंगर, माती, जनावरां, झाडां, वाठार, फातर हांचें मानवीकरण करून थळावीं मिथकां घडल्यांत. दान धर्माचे विधी, मौखीक रुपांतलीं गाराणीं, सांगणीं हातूंतल्यान मिथकां आकाराक

GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal
ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

आयल्यांत. इतिहासांतल्या तशेंच लोककाणयांतल्या स्त्री/पुरूशांचें अतिमानवीकरण करून थळावीं मिथकां लोकजिवनांत आपलें खाशेंलें स्थान घेवन आसात.

5. गोंयचीं थळावीं मिथकां आदिमानवाचो प्राचीन काळ ते आधुनीक जीवना मेरेन कुटुंबीक, समाजीक, संस्कृतीक, सैमीक एकचार सांबाळून तातूंत संतूलन दवरपाचें कार्य करीत आयल्यांत.
6. गोंयच्या थळाव्या मिथकां संबंदी कोंकणीची भाशीक गिरेस्तकाय दाखोवपी उतरावळ, म्हणी, मौखीक साहित्यांतले संदर्भ, काणयो, दंतकथा, गाराणीं, सांगणीं, नमन, गितां आदींच्या स्वरुपान साबार आदीबंध मेळटात.
7. थळावीं मिथकां आनी तांकां संबंदींत गोंयांत साबार परंपरा, रुढी, जात्रा, उत्सव, फेस्तां दर वर्साक नेमान जातना दिसतात.
8. कांय ग्रामीण मिथकां मदीं प्राचीन काळांतल्यान भाव-भयणीचें, घोव-बायलेचें नातें मेळटा. हें नातें दर वर्साक उत्सवांतल्यान ग्रामीण समाज मनयतना दिसता.
9. ग्रामीण आनी थळाव्या मिथकां संबंदी लोकमानसांत एका आदरयुक्त भयाची आनी भययुक्त आदराची भावना आसा. हेच भावनेक लागून ग्रामीण लोकमानसांत जगपी समाज आपल्या देवा संबंदी आनी तांच्या थळां संबंदी केन्नाच कांय वायट करपाचें चिंतिना. देवी देवता उल्याक पावतात हो खर विश्वास हांगा दिसून येता. हीं मिथकां मनशाचेर कळनासतना नियंत्रण दवरतात.
10. गोंयचीं नाग, रवळनाथ, सती, ब्रम्हो, वीर, भूत आदी थळावीं मिथकां गोंयच्या कांय वाठारांची खाशेली वळख आसात. जाल्यार समेस्त गोंय भर मेळपी देंवचार, सांतेरीचीं असंख्य रुपां, बेताळ आदी सारकेलीं मिथकां गोंयचे प्रादेशीक अस्मितेची वळख आसात.

समारोप:

गोंयच्या थळाव्या मिथकांचें स्वरूप हें पुराय तरेन सैमांतल्या शक्तींतल्यान उदेवाक आयिल्ल्याचें स्पश्ट जाता. थळावीं मिथकां आनी तांकां संबंदीत विधी हातूंतल्यान तांकां विशिश्ठ रूप आनी स्वरूप प्राप्त जालां. कांय मिथकां : शिळा, रोयण, कळस, घुमटी, झाड, प्रतिमा, घुडयो पादुका, अशाय रुपांत पुजलेलीं आसात. जाल्यार वयर अभ्यासांत कांय मेजकींच मिथकां घेतल्यांत जीं आपल्या मूळ स्वरूपांत गोंयच्या गांवागांवांनी आपलें खाशेलें नांव, विधी, रूप, उत्सव, आनी थळ घेवन अस्तिवांत आसात. कांय गांवांनी अजून मेरेन तांचें मूळ स्वरूप तशेंच आसा पूण कांय

GYANBODH
An International Multidisciplinary Peer Reviewed Journal
ISSN:3048-9792
Volume: 3
Issue: 5
September-October: 2026

देवी देवतांच्या नांवांत, रुपांत आनी विधींचें आर्यीकरण जाल्ल्या कारणान तांचें मुळावे संकल्पनेंत तशेंच तांच्या मुळाव्या स्वरूपांत बदल जाला. तातूंत देंवचार-इश्वर देखीक बोडगिणी वयलो-बोडगेश्वर, बाबरो-बाबरेश्वर सांतेर-सांतेरी, बेताळ-वेताळ हांगा उल्लेख करपा सारकें म्हणजे पैंगीण काणकोणच्या देवळाचें उन्नयन जाल्या उपरांत नवे वास्तूच्या दरवट्यार 'श्री बेताळाय नमः' अशें बरयल्ल्याचें दिसून आयलां, मलकाजण-मल्लिकार्जुन, पुरीस-पुरुशोत्तम, रवळू-रवळनाथ, ब्रम्हो-ब्रम्हदेव अशेय बदल घडलेले दिसतात.

संदर्भ

1. *Encyclopaedia Britannica. I. M. C. Mico paedia, Vol. 7*
2. *World Book of America. Page 764*
3. पवार, दत्ता. राजा शिवाजी वाङमयीन मिथ. पृ. 52
4. खेडेकर, विनायक. गोवा देवमंडल, उन्नयन आणि स्थलांतर. प्रथम आवृत्ती: जुलै 2018. राजभाशा संचालनालय गोवा सरकार.
5. नायक, जयंती. लोकवेद विमर्श. गोवा कोंकणी अकादेमी.
6. नायक, जयंती. गूढबंध(लोकसंस्कृतीक लघुनिबंध). राजाई प्रकाशन.
7. मांडे, प्रभाकर. लोकसाहित्याचे स्वरूप. सविता प्रकाशन. औरंगाबाद, द्वितियावृत्ती: 1989, पान 107